# शेती खात्याचो सप्टेंबर म्हयन्याचो नियाळ

ता. 4 ऑक्टोबर 2018
12 आश्विन 1940

शेती खात्यान दिल्ल्या सप्टेंबर म्हयन्याच्या नियाळाप्रमाण पावसाळयात पिक लागवडीची प्रगती समाधानकारक आसा. पावसाळयात लागवड केल्ल्या भात पिकांक खंयच्याय वाठारात किड वा रोग लागिल्ल्याचे दिसू ना. पेडणे, बार्देस आनी सांगे म्हालात भुईमूगाच्या लागवडीची तयारी वेळार सुरू जातली.

गोंय राज्य हॉर्टिकल्चर महामंडळान धेंपे कॉलेज मिरामार आनी शेती खात्याच्या सहकार्यान पणजे, मिनेझिस ब्रागांझा सभाघरात गोंयच्या शेतक-यांच्या भाजीपाल्याची निर्गत हया विशयाचेर दोन दिसाची कार्यशाळा घेतली.

मा/सप/टीएसएस/जॉआ/विगां/सुसुका/2018/1623